२३-०८-२०२५ सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो :

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या म्हयन्याच्या २९ तारखेसावन जपान आनी चीनच्या चार दिसांच्या दौऱ्यावर वतले.

माल आनी सेवा कर- जीएसटी परिषदेची ५६ वी बसका फुडल्या म्हयन्याच्या ३ आनी ४ तारखेक नवी दिल्लीत जातली.

अमेरिकेचे राश्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी तांचे लागीचे  सहाय्यक सर्जियो गोर हांची भारतातल्या अमेरिकेचे राजदूत आनी दक्षिण आनी मध्य आशियाखातीर विशेष दूत म्हूण नियुक्ती जाहीर केल्या.

आयज देशात दुसरो राष्ट्रीय अंतरिक्ष दिस मनयतात. २३ ऑगस्ट २०२३ ह्या दिसा चांद्रयान-३ मोहिमेच्या विक्रम लँडरचे अवकाशात आनी प्रज्ञान रोव्हरचे चंद्राचेर यशस्वी प्रक्षेपण जाल्ल्याचो उगडास म्हूण हो दिस मनयतात.

काल बल्गेरियांतल्या समोकोव्ह शारांत जाल्ल्या 20 वर्सां सकयल्या संवसारीक कुस्ती सर्तींत भारताच्या काजल दोचाक भांगरा पदक जाल्यार श्रुती आनी सारिका हांणी कांश्या पदक मेळयलें.

प्रधानमंत्री - जपान-चीन दौरा – १२०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या म्हयन्याच्या २९ तारखेसावन जपान आनी चीनच्या चार दिसांच्या दौऱ्यावर वतले. प्रधानमंत्री मोदी २९ आनी ३० ऑगस्टाक १५ व्या भारत-जपान वर्सूकी शिखर परिषदेत वाटेकार जातले. प्रधानमंत्री मोदींचो जपानचो हो आठवो दौरो आसतलो तशेच जपानचे प्रधानमंत्री शिगेरू इशिबा हांचेवांगडा पयली शिखर बसका आसतली. हे भेटीवेळार, दोनूंय प्रधानमंत्री संरक्षण, सुरक्षा, वेपार आनी अर्थवेवस्था, तंत्रगिन्यान आनी नवनिर्माण सयत खाशेल्या रणनिती आनी जागतीक भागीदारीचो नियाळ घेतले. प्रादेशिक आनी संवसारीक म्हत्वाच्या प्रस्नांचेरूय दोनूय फुडारी चर्चा करतले.

भेटीच्या दुसऱ्या पावंड्यात, प्रधानमंत्री मोदी ३१ ऑगस्ट ते १ सप्टेंबर मेरेन तियानजिनात जावपी शांघाय सहकार्य संघटनेच्या शिखर परिषदेत वाटेकार जावपाखातीर चीनाक भेट दितले. शिखर परिषद सोडून, ते खूपश्या संवसारीक फुडा-यांवांगडा द्विपक्षीय बसका घेतले. भारत २०१७ सावन शांघाय सहकार्य संघटनेचो वांगडी आसा. २०२२-२३ ह्या वर्सा भारतान हे संघटनेच्या राश्ट्राध्यक्षांच्या परिषदेचे अध्यक्षपद सांबाळला.

जीएसटी बसका – ७०

माल आनी सेवा कर- जीएसटी परिषदेची ५६ वी बसका फुडल्या म्हयन्याच्या ३ आनी ४ तारखेक नवी दिल्लीत जातली. केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांच्या अध्यक्षतायेखाली ही बसका जातली. जीएसटी परिषदेची फाटली बसका फाटल्या वर्सा डिसेंबरात राजस्थानातल्या जैसलमेर हांगा जाल्ली. हे वेळार माल आनी सेवा कराकडेन संबंधित खूपशे

निर्णय घेतले, तातूंत पोशणयुक्त तांदळाचो दर पाच टक्क्यांनी उणो करपाचो आनी प्री-पॅक्ड आनी लेबल केल्ल्या वस्तूंची व्याख्या बदलपाची शिफारस तेवेळार केल्ली.

120

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी अस्तंत बंगालांतल्या कोलकाताांत नव्यान बांदिल्ल्या विभाग मेट्रो रेल्वे सेवेक बावटो दाखयलो आनी 5 हजार 200कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या, जायत्या उदरगत प्रकल्पांचे उक्तावण केले. तशेंच ह्या निमतान ताणी मेळाव्यांक संबोधित केले. ऑपरेशन सिंदूरान भारताच्या संरक्षण धोरणांत नवी दिका दिल्या अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी बिहार भेटेवेळार सांगले.ताणी आयज बिहारात वट् 13 हजार कोटी रुपयांच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केंले आनी काय प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर घालो. हातुत वीज, रस्तो, भलायकी, शारी उदरगत आनी उदका पुरवण प्रकल्पांचो आस्पाव आसा. तशेंच गया आनी दिल्ली मदीं अमृत भारत एक्सप्रेस गाडी, आनी वैशाली आनी कोडरमा हांचे मदल्या बौध्द सर्किट गाड्येकय ताणी पाचवो बावटो दाखयलो हाक लागून ह्या वाठारांतल्या मुखेल बौध्द सुवातींनी पर्यटन आनी धर्मीक प्रवासाक चालना मेळटली. प्रधानमंत्री आवास येवजणच्या लावार्थ्यांक चावी दितना ताणी सांगलें( byte 20 सेक )तशेच रोजगार निर्मा नाखातीर मुख्यमंत्री नीतीश कुमार हांणी केल्ल्या यत्नांची तांणी तोखणाय केली.

सेमीकॉन इंडिया – १५०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फुडल्या म्हयन्याच्या 2 तारखेक नवी दिल्लींत चवथ्या सेमीकॉन इंडिया 2025 चें उक्तावण करतले. मायक्रो इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी सेमिकंडक्टर मोल साखळींत देशाची वाडत वचपी क्षमता आनी महत्वाकांक्षा दाखोवप हो ह्या तीन दिसांच्या कार्यावळीचो मुखेल

हेत आसा. काल नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयतना इलेक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रगिज्ञान मंत्रालयाचे सचीव एस कृष्णन हांणी सांगलें, पयलेच खेपे ह्या प्रदर्शनांत जपान, दक्षिण कोरिया, सिंगापूर आनी मलेशियाचे चार आंतरराष्ट्रीय मंडप आसतले. तशेंच 18 देशांतल्यान आनी प्रदेशांतल्यान 350 प्रदर्शन कंपन्यो आपल्या उत्पादनांचे प्रदर्शन करतली. णव राज्यांय ह्या कार्यावळीत वांटेकार जातलीं अशेंय कृष्णन हांणी सांगलें. संवसारीक सहकार्य वाडोवप, घरगुती नवनिर्माणाक ऊर्बा दिवप आनी विस्वासांत घेवपासारकें, मापनीय आनी स्पर्धात्मक इलॅक्ट्रॉनिक्स उत्पादन केंद्र म्हूण भारताची भुमिका घटमूट करप हो हे सेमीकॉन इंडिया 2025 चो मुखेल हेत आसा. संवसारीक दर्ज्याचो सेमिकंडक्टर उद्देग उबारपाचे दिकेन हो देशांतलो एक बळिश्ट यत्न आसा. तशेंच नवनिर्माणाच्या फुडारपणा खाला चिप डिझायन उद्देगांक एक माची दिवपी समर्पीत सेमिकंडक्टर डिझायन स्टार्टअप मंडप हे कार्यावळींत आसतलो.

सर्जियो गोर – ९०

अमेरिकेचे राश्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी तांचे लागीचे  सहाय्यक सर्जियो गोर हांची भारतातल्या अमेरिकेचे राजदूत आनी दक्षिण आनी मध्य आशियाखातीर विशेष दूत म्हूण नियुक्ती जाहीर केल्या. ट्रुथ सोशलवेल्या पोस्टवरवी तांणी ही नियुक्तीची घोषणा केली. संवसारातल्या   सगळ्यात चड लोकसंख्या आशिल्ल्या प्रदेशाखातीर तांका अशा व्यक्तीची गरज आशिल्ली जो तांच्या येवजणेप्रमाण काम करूंक शकता आनी अमेरिकेक परतून महान जावपाक मजत करूंक शकता अशें ट्रम्प हांणी सांगले.   सर्जियो एक अपवादात्मक राजदूत थारतले. गोर हांणी ट्रम्प प्रशासनात मध्यवर्ती भूमिका वठयल्या. गोर एरिक गार्सेटी हांची सूवात घेतले.  11 मे 2023 ते 20 जानेवारी २०२५ मेरेन तांणी राजदूत म्हूण काम केल्ले.

राष्ट्रीय अंतरिक्ष दिस - 210

आयज देशात दुसरो राष्ट्रीय अंतरिक्ष दिस मनयतात. २३ ऑगस्ट २०२३ ह्या दिसा चांद्रयान-३ मोहिमेच्या विक्रम लँडरचे अवकाशात आनी प्रज्ञान रोव्हरचे चंद्राचेर यशस्वी प्रक्षेपण जाल्ल्यायाचो उगडास म्हूण हो दिस मनयतात. चंद्राच्या दक्षिण ध्रुवाचेर पावप हें भारता खातीर म्हत्वाचें काम आनी ताका लागून भारत हो चंद्राच्या पृश्ठाचेर देंवपी चवथो देश आनी दक्षिण ध्रुवा लागसार पावपी पयलो देश थारला. आर्यभट्ट ते गगनयान: पुर्विल्ल्या गिन्यानांतल्यान अनंत शक्यताय हो अंदूंच्या राष्ट्रीय अंतरिक्ष दीस उत्सवाचो विषय आसा. अंतरिक्ष दिसाच्या उत्सवाचो एक भाग म्हूण भारतीय अंतरिक्ष संशोधन संघटना - इसरोन काल नवी दिल्लींत दुसरी राष्ट्रीय अंतरिक्ष परिशद घडोवन हाडली. ह्या कार्यावळीत जायते मंत्रालय, खाजगी भागधारक, शिक्षणतज्ञ, स्टार्टअप आनी तज्ञ हाजीर आशिल्ले. तातूंत 10 मुखेल सत्रां जालीं, जातूंत शेंकड्यांनी तज्ञांनी वांटो घेतलो. कार्यावळीच्या निमाण्या अधिवेशनांत प्रधानमंत्रीचे मुखेल सचीव पी. के मिश्रा हांणी भारताच्या अंतरिक्ष प्रवासाची तोखणाय केली आनी शेतकी आनी भलायकी सावन आपत्ती वेवस्थापन आनी हवामान बदलाचेर मात करपा मेरेन पुरायपणान सरकाराचो दृश्टीकोन आस्पावता अशें सांगले. अंतरिक्ष म्हळयार फकत नखेत्रां जिखप न्हय तर धर्तरेचेर मनशांचें जिवीत सुदारप अशेंय तांणी सांगलें. सुदारणा आनी धोरणांक लागून भारताच्या अंतरिक्ष क्षेत्रा खातीर अपूर्व संद मेळळयात. 2014 वर्सा दोन स्टार्टअप आशिल्ले आनी आतां 350 वयर जाल्यात अशें तांणी सांगलें.

स्वातंत्र्याची शंबर वर्सां पुराय जावचे पयलीं भारताक विकसीत देश करपाखातीरच्या विकसित भारत 2047 मोहिमेत इसरो योगदान दितलो अशें भारतीय अंतरिक्ष संशोधन संघटनेचे अध्यक्ष व्ही. नारायणन हांणी सांगलें. (byte)

प्रधानमंत्री - राष्ट्रीय सैमिक शेती अभियान – ७०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लीतल्या भारतीय कृषी संशोधन परिषदेत राष्ट्रीय सैमिक शेती अभियानाचो शुभारंभ करतले. फाटल्या सप्तकात राज्यांच्या शेतकी मंत्र्यांवांगडा जाल्ल्या बसके उपरांत शेतकी मंत्री शिवराज सिंह चौहान हांणी हे संदर्भात घोषणा केल्ली.

फाटल्या वर्सा नोव्हेंबरात केंद्रीय मंत्रिमंडळान ह्या अभियानाक केंद्रीय येवजण म्हूण मान्यताय दिल्ली. २०२५-२६ ह्या वर्सात हे येवजणेचो खर्च २,४८१ कोटी रुपया इतलो आसा, ज्यातूंत केंद्राचो वाटो १,५८४ कोटी रुपया इतलो आसा, तर राज्यांचा वाटो ८९७ कोटी रुपया इतलो आसा.

हवामान – ८०

उदेंत राजस्थानांत आयज अत्यंत व्हड पावसा खातीर हवामान खात्यान रेड अलर्ट जारी केला. हवामान खात्यान फुडले 2 ते 3 दीस दिल्ली, हरियाणा, बिहार, झारखंड, छत्तीसगढ, गुजरात, चंडीगढ, पंजाब, उत्तराखंड, अस्तंत मध्य प्रदेश, अस्तंत राजस्थान आनी उत्तर वाठारांतल्या जायत्या सुवातींनी वादळी पावसाची अदमास उक्ताला. ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, उत्तर प्रदेश आनी अस्तंत बंगालांत अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा. तशेंच आयज बिहार, भितरल्या कर्नाटक, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, गिलगित, बाल्टिस्तान, मुजफ्फराबाद, झारखंड, ओडिशा, तेलंगना, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमांतल्या कांय सुवातींनी वीज पडून गडगड आनी खर वारें येवपाचो अदमासूंय हवामान खात्यान उक्तायला.

कुस्ती – ६०

काल बल्गेरियांतल्या समोकोव्ह शारांत जाल्ल्या 20 वर्सां सकयल्या संवसारीक कुस्ती सर्तींत भारताच्या काजल दोचाक भांगरा पदक जाल्यार श्रुती आनी सारिका हांणी कांश्या पदक मेळयलें.

काजल हिणे 72 किलो वजनाच्या फायनलींत चीनाच्या युकी लियूक 8-6 अशें हारयले. बायलांच्या 53 किल गटात पोलंडाची इलोना वाल्चुक हिका हारोवन सारिकान कांश्या पदक मेळयले. जाल्यार श्रुतीन 50 किलो गटात जर्मनीची जोसेफीन रेंच हिका 6-0 अशें हारयले.